**उत्तर प्रदेशातल्या वाराणसी शारांत Goa@60 रोड शो चे उक्तावण**

ता. 23 सप्टेंबर 2022

गोंय राज्यातल्या पर्यटन वेवसायाक प्रोत्साहन दिवपाच्या उद्देशान तशेंच गोंय राज्यान विंगड विंगड मळार केल्ली प्रगती आनी विकासाचे प्रदर्शन घडोवपा खातीर माहिती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाच्या जोडपालवान उत्तर प्रदेशातल्या वाराणसी ह्या पवित्र शारांत आयोजीत Goa@60 रोड शो ची आयज भव्य सुरुवात जाली.

माहिती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांच्या हस्तुकीं रोड शो चे उक्तावण जाले. उक्तावणाच्या कार्यक्रमाक पर्यटन खात्याचे संचालक श्री. निखिल देसाय, उत्तर प्रदेश प्रयटन विभागाचे माहिती अधिकारी श्री कीर्तीमान श्रीवास्तव, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे सरवेवस्थापक श्री लक्ष्मीकांत वायंगणकर, माहिती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाचे माहिती अधिकारी श्री प्रकाश नाईक, सहाय्यक पर्यटक अधिकारी श्री. मिलिंद चोडणकर, जायरात वेवस्थापक श्री प्रविणकुमार फळदेसाय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना श्री दीपक बांदेकर हांणी सागंलें, गोंय आपल्या मुक्तीचे 60 वे वर्स मनयता. त्या निमतान राज्य सरकारान गोंयांत साबार कार्यक्रम आनी उपक्रमांचे आयोजन केले. ह्या कार्यक्रमांचो एक भाग म्हूण Goa@60 रोड शो चे देशाच्या विंगड विंगड राज्यांत आयोजन करपात येता. अशा रोड शो च्या माध्यमातल्यान गोंयची संस्कृती आनी राज्यान विंगड विंगड क्षेत्रात केलेल्या दोळे दिपकावपी प्रगतीचे प्रदर्शन धडोवपात येता.

भारतातल्या स शारांनी रोड शोचे आयोजन केल्ले आसून अहमदाबाद शारांतल्यान ताची सुरूवात जाली आनी उपरांत उदयपूर राजस्थान आनी आता वाराणसीत रोड शो जाता. ह्या तीन दिसाच्या कार्यक्रमातल्यान गोंयच्या मुक्ती चळवळीचो इतिहास, गोंयची समृद्ध सांस्कृतिक परंपरा, खाणांजेवणां, सरबराय, वारसो आनी प्रगतीचे सादरीकरण करपात येता. राज्यातल्या पर्यटन उद्देगाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर पर्यटकांक आनी गुंतवणूकदारांक आकर्शीत करप हो रोड शो चो उद्देश आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/574

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji